**Panaji regional news 11 oct 2025, 7.20pm**

**मंत्री विश्वजीत राणे**

चलयां विशींचे गैरसमज पयस जावपाक जायः मंत्री विश्वजीत राणे

आयच्या काळांत चलो आनी चली हातूंत फरक ना. समाजांत चलयां विशींचे गैरसमज पयस जावपाक जाय.  सामाजीक विचार बदलपा खातीर सगल्यांनी यत्न करपाची गरज आसा, अशें बायलां आनी बाल कल्याण मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणले. संसारिक चलयो दिसा निमतान शेनवारा गोंय वैजकी महाविद्यालयात आयोजीत केल्ले कार्यावळींत ते उलयताले. ह्या वेळार खात्याची संचालिका ज्योती देसाय, सचीव अरुण कुमार मिश्रा आनी अधीक्षक डॉ. राजेश पाटील हाजीर आशिल्ले.शिक्षण, करियरा खातीर चलयांक तेंको दिवपाक जाय. आयज चलयो चल्यां वांगडाच दरेका मळार मुखार आसात. ‘चली शिकली जाल्यार पुराय कुटुंबाची उदरगत जाता’   हाची जायतीं उदाहरणां समाजांत आसात, अशें मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सुरू केल्ल्या ‘बेटी बचाओ बेटी पढ़ाओ’   मोहिमेचो देशभरांत बरो परिणाम दिसून येता. सामान्य मनीस लेगीत समाजा खातीर काम करूंक शकता. चलयो आनी बायलां विशीं वायट भावना दवरचे नात अशी प्रतिज्ञा सगळ्यांनी करपाक जाय अशें मंत्री राणे हांणी सांगलें.

**पंतप्रधान धन धान्य कृषी येवजण**

मडगाव: शेतकारांचया फायद्याखातीर ह्या आदी सुरु केलल्यो ३६ येवजणो एकठांय करुन नवयान तयार केलली पंतप्रधान धन धानय कृषी येवजण आयज मडगांवां सुरु केली. दक्षिण गोंयांत हे येवजणेची सुरुवात भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांचया हसतुकी जाली. भारताक शेतीप्रधान देश करपाची माेख प्रधानमंत्री नरेंद्र माेदी हांणी दोळयासामकार  दवरुन ही येवजण देशात हाडलया. गोंयचया शेतकारांकय हे येवजणेचो मोटो फायदो जातलो अशें कामत हांणी सांगलें.ही येवजण लागू करपाखातीर देशांतले १०० जिलहे वेंचून काडलयात तातूंत दक्षिण गोंय जिलहयाचोय आसपाव आसा. शेतकी उतपादकता वाडोवन

आनी शेतकारांचे उतपन्न वाडोवप ही मोख ताचया फाटलयान आसा. प्रधानमंत्री किसान सनमान निधी, प्रधानमंत्री फसल बिमा याेजना आनी प्रधानमंत्री कृषी संचन याेजना ह्या तीन मुखेल योजनांसयत एकूण ११ खातयांतलयाे ३६ येवजणो एकठांय करुन ही नवी येवजण फुडें हाडलया. २०३१ मेरेन ही येवजण चालीक लावपाखातीर वट्ट १४४ लाख कोटी रुपयांची केंद्र सरकारान तजवीज केलया. देशाक शेतकीमळार आतमनिर्भर करपाखातीर आनी भारत हो शेतीप्रधान देश करपाखातीर केंद्र सरकार उतरान बांदिलमाे आसा आनी तयाखातीर ही येवजण फुडें हाडलया. सर्वसामानय शेतकारांवांगडाच शेतकी मळार बायलांनीय फुडें येवचे हे खातीर हे येवजणेत तजवीजो केलयात अशें तांणी सांगलें.ह्यावेळार गोंय सरकारचे शेतकी संचालक संदीप फळदेसाय हे येवजणेचे संयोजक शिवराम गावकार आनी रघुनाथ मोरजकार हांणी शेतकारांक निसर्गिक शेतांचेर जालयार डॉ. ऋषिकेश पवार हांणी नुसतेमारी शेतीचेर मार्गदर्शन केले. ह्या मेळावयाक बायलां शेतकारांचो आसपाव मोट्या प्रमाणात आसलाे. दक्षिण गोंयचयो उपजिलहाधिकारी शर्मिला गांवकार ह्योय ह्यावेळार हाजीर आशिलमयो

3) श्री देव रुद्रेश्वर देवस्थान हरवळे साखळी आनी श्री रुद्रेश्वर रथोत्सव समिती गोवा हांचेवतीन फाल्यां आयतार 12 ओक्टोबर दीस हरवळें हांगासर दनपारां 3 वरांचेर भंडारी समाजाचे जिल्हा पंचायत सदस्य, नगरसेवक तशेच पंच वांगड्यांचो सत्कार जातलो.या सुवाळ्याक केंद्रीय ऊर्जा आनी नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री खासदार श्रीपाद नाईक मुखेल सोयरे या नात्यान हजर आसतले. त्यांच्या वांगडा शेतकीमंत्री रवी नाईक ,भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष दामू नाईक, काँग्रेसचे गिरीश चोडणकर, आम आदमी पार्टीचे प्रदेशाध्यक्ष अमित पालेकर ,शिवसेनेचे अध्यक्ष उपेंद्र गावकर आनी श्री रुद्रेश्वर देवस्थान समितीचे अध्यक्ष यशवंत माडकर हजर आसतले.

**पदवीदान सुवाळो**

) गोंय सरकारच्या कौशल्य उदरगत आनी उद्योजकता संचालनालयाचे वतीन दिवचलच्या सरकारी औद्योगिक प्रशिक्षण संस्थेचो पदवीदान सुवाळो हालींच जालो. या सगळ्याक मुखेल सोयरे म्हणून दिवचल मतदासंघाचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हजर आसले. तांचेवांगडा मये मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, कौशल्य उदरगत संचालनालयाचे अध्यक्ष विनायक कांबळे हजर आसले.मानेस्तांचे हस्तुकी पदवीदान सुवाळो संपन्न जालो. ह्या वेळार डॉक्टर रघुवीर च्यारी नाचनोळकर हाणीं विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें. आपल्या उलोवपांत आमदार शेटये हाणी सांगले की कौशल्य विकासाच्या माध्यमातल्यान रोजगार निर्मिती आनी स्वावलंबनाचें महत्त्व जाणा जावन घेवन विद्यार्थ्यांनी स्वतःची उदरगत घडोवन हाडपाची गरज आसा अशें आमदार चंद्रकांत शेटये हाणीं सांगलें.

**सां जुझे द आरियलच्या सरपंच आनी उपसरपंचाआड अविश्र्वास थाराव संमत**

मडगाव: साशष्ट तालुक्यांत आसपावपी सां जुझे द आरियल पंचायतीच्यो सरपंच कार्मिन फर्नांडीस आनी उप सरपंच पिएदाद कार्दोज हांचे आड दाखल केल्लो अविस्वास थाराव 6 आड 0 मतांनी संमत जालो. ते खातीर दोगांयकय आपल्या पदावयल्यान देंवचें पडलां.काल हे संबंदी बसका जाली ते बसकेत जाल्ले मतदानात वालेंत फर्नांडीस, मार्सेलिनो गुदिन्हो, जॉयस डायस, लिंडा फर्नांडीस, संदीप नायक आनी जॉर्जिना तेरेझा हांणी ह्या थारावाच्या अर्दान मतदान केलें जाल्यार सरपंच कार्मिन फर्नांडीस, उपसरपंच पिएदाद कार्दोज हांचेसयत गाब्रिएल ओलिव्हेरा, दर्शन नायक आनी एरोन फर्नांडीस हे मतदानात वांटेकार जावंक नात.

हे पंचायतीचे सरपंच आनी उपसरपंच ह्या दोगांयचेर अविस्वास आयिल्ल्यान हे पंचायतीचें नियंत्रण प्रशासकाच्या हातांत दिवपाचे आसात आनी बेगीनूच नवो सरपंच आनी उपसरपंच वेंचून काडपा खातीर बसका आपयतले अशे सुत्रांनी कळीत केला.

## सोमारा बदला आतां मंगळारा उदका पुरवण शटडाऊन

मडगाव: कोलवा हांगा सोमारा १३ ऑक्टोबराक फामाद फाम उत्सव आशिल्ल्यान साळावली हांगाच्या उदक पुरवण प्रकल्प आनी उदका पायप लायनीची देखरेख आनी दुरुस्ती करपा खातीर १३ ऑक्टोबराक जो शटडाऊन जाहीर केल्लो तातूंत बदल करुन आतां मंगळारा १४ ऑक्टोबराक दवरला.ह्या दुरुस्ती कामा खातीर 14 ऑक्टोबराक उदक पुरवण प्रकल्प सकाळीं 9 ते सांजे 5 मेरेन बंद दवरपाचे आशिल्ल्यान दक्षिण गोंयांतल्या सांगे, केपे, साश्टी आनी मुरगांव तालुक्यांनी 14 आनी 15 ऑक्टोबराक मर्यादीत उदका पुरवण जातली अशी म्हायती उदका खात्यान दिल्या.हाचे आदीं हो शटडाऊन 13 ऑक्टोबराक जावपाचो आशिल्लो, हाका लागून 13 आनी 14 ऑक्टोबराक उदका पुरवण मर्यादीत प्रमाणांत जावपाची आशिल्ली.पूण 13 ऑक्टोबराक कोलवा हांगाचो फाम उत्सव हुसक्कयाविरयत तो मनोवचो ह्या खातीर हो शटडाऊन एका दिसान फुडें व्हेला.

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोंकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.